**प्रादेशिक खबरो ०२.०३.२०२६. @ ७.२५ AM**

**गणेश 180**

गोंय हे 2037 मेरेन शेती, भाजी, दूद आनी नुसते उत्पादनात स्वयंपूर्ण जातलें, अशी आस्त मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तायली. सुर्ला - साखळे हांगा सामुदायिक शेती प्रकल्पाचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी उक्तावण जालें. हे वेळार प्रगतशील शेतकारांक आत्मा पुरस्कारांचे वाटप केलें. कार्यावळीक शेतकी संचालक संदीप फळदेसाय, जिल्हो पंचायत वांगडी सुंदर नायक तशेच थळावे लोकप्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. तरेकवार वाठारातले शेतकार हे कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. खाजन शेती तशेच हेर पडीक शेती लागवडी खाला येवची म्हूण येत्या अर्थसंकल्पात शेती तशेच सामूदायिक शेती खातीर भरीव तजवीज आसतली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. तरणाटे लेगीत आता शेती करपाक देवपाक लागल्यात. शेती तशेच बागायतीचे प्रमाण वाडपाक लागिल्ल्यान 2037 मेरेन दूद, शेती आनी भाजयेत गोंय हे स्वयंपूर्ण जातलें. पर्यटन, खण हे वेवसाया इतलोच शेती हो गोंयकारांचो वेवसाय आसा. शेती लेगीत व्हडा प्रमाणात लावकारी जाव येता, हे वरद सामंत हांणी सिद केला. फाटले 6 वर्सांत वरद सामंत हांची येणावळ 1 कोटी 80 लाख रूपया आसा. दरेकी म्हालात वरद सामंत हांचे सारके शेतकार तयार जावपाची गरज आसा. बेळगाव परस गोंयच्या भाजयेचो दर्जो बरो आसा. शेतकारांनी उत्पादन वाडयले जाल्यार बेळगावची भाजी खावपाची वेळ गोंयकारांचेर येवची ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. **Byte**

**बसकां 50**

मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी गोंय राज्य अर्थसंकल्प 2026-27 च्या फाटभुयेर अर्थसंकल्पा पयलीं अध्यक्ष म्हण सल्लागार बसकां घेतली तातूंत भागधारक आनी उद्देगीक संस्थांचे व्यापक सहभागी वाटेकार जाले. वेवसाय करपाची सोय घटमूट करपाक, पर्यटनाक चालना दिवपाक,MSME क आदार दिवपाक, हरित उर्जेचो प्रसार करपाक आनी रोजगार संदी निर्माण करपाक मोलादीक सुचोवण्यो आनी क्षेत्र विशिश्ट सुचवण्यो मेळळ्या.

**प्रसाद 110**

ज्येश्ठ नागरिकांनी आयचे तरणाटे पिळगेक यशस्वी जिवीत कशें जगचें आनी तांकां येवपी अडचणींक कशे तोंड दिवचे हाचेर मार्गदर्शन करचें अशें माधवराव ढवलीकार चॅरिटेबल ट्रस्टाचे ट्रस्टी आणि तरणाटे फुडारी मिथिल ढवलीकार हांणी म्हणला. बांदोड्याच्या दयानंद बांदोडकर मैदानांचेर प्रोबस क्लब आनी प्रोबस ट्रस्ट हांच्या सहकार्यान माधवराव ढवळीकार चॅरिटेबल ट्रस्टाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या वर्सुकी खेळां महोत्सवाच्या आनी ज्येश्ठ नागरिकां खातीर समाजीक मेळाव्याच्या इनामां वांटपाच्या सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले. प्रोबस क्लबाचें काम उल्लेखनीय आसा आनी ते तलावली गांवांतल्या सार्थक ओल्ड एज होमांत सेवा दितात. फार्मागुडींत एक प्रशस्त इमारत बांदतले आनी थंय सगळ्यो सुविधा आशिल्लें जाण्टया  खातिर घर आसतलें. ह्या प्रकल्पाक माधवराव ढवळीकार चॅरिटेबल ट्रस्ट आनी थळावो आमदार सुदीन ढवळीकार हांचो सगळो आदार मेळटलो अशें आश्वासन तांणी ह्या वेळार दिलें.

**सुभाष 70**

२०२५ वर्सा राज्यांत १ हजार ८६० क्षयरोग दुयेंतीची नोंद जाल्या आनी प्रतिबंधात्मक चांचणी करून घेवप्यांचो आंकडो लेगीत ४६ टक्क्यांनी वाडल्या अशी माहिती सरकारी आंकडेवारी प्रमाण जाहीर जाल्या. क्षयरोगा संबंधान तिगून उरपी उदरगतीचे लक्ष्य साध्य करपाक भारत सरकारान टिबी मुक्त भारत अभियान चालीक लायलां. राष्ट्रीय भलायकी मोहिमे खाला हे अभियान चालू आसा. क्षयरोगाचो संभाव्य धोको आशिल्ल्या वाठारांनी प्रतिबंधात्मक उपाय घेवप , चांचण्यो करप , वा आदी वैजकी उपचार करप ह्या मोहिमेखाला सेगीत चालू आसता.

**शिव जयंती 2026**

स्वमी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या कॉलेज ऑफ कॉमर्स, बोरी, , हांगाच्या विद्यार्थी काउन्सिलान परम्परा 1.0   खाला  शिव जयंती 2026 ही एक  आंतर-महाविद्यालयीन

वस्तादपण सर्त जाहीर केल्या. ही स्पर्धा बोरीच्या स्वामी विवेकानंद विद्या प्रसारक मंडळाच्या कॉलेज ऑफ कॉमर्स हांगा 7 मार्चक जातली.

**प्रसाद** 180

फोंडा बिरेस्तार ५ मार्चाक जावपी राज्यस्तरीय शिमगोत्सव मिरवणुकींत १६ रोमटामेळ, १४ चित्ररथ देखावे , ५ लोकनृत्य पग़ड तशेंच प्रत्यक्ष मिरवणुकींत वेशभूषा सर्तक सहभागी जातले अशें शिमगोत्सव ट्रस्टचे अध्यक्ष रितेश नाईक हानि माहिती दिली.अंदू वरसा शिमगोत्सव मिरवणुकींत स्पर्धेचे खास आकर्शन म्हणल्यार दिव्यांग भुरग्यांचो रोमटामेळ' पग़डाचो समावेश आसा.

**स्पोर्ट्स १०**

विद्यापीठ पातळेचर BCCI विन्झी त्रोफी एका दिसाच्या क्रीएकेत सर्तीत रणजी खेल्गडे खेल्तले, १ ते ७ मार्च मज गती सरत गोयात जातली

हॉकी 55

या महिन्याच्या ८ ते १४ तारखे मेरेन जावपी FIH विश्वचषक २०२६ पात्रता फेरी खातीर भारतीय बायला हॉकी पंगड काल हैदराबादात दाखल जालो. बेंगळुरूत म्हयनोभर चलपी सराव शिबिरा उपरांत यजमान पंगड हैदराबादात पावलो. भारताचो आसपाव स्कॉटलंड, उरुग्वे आणि वेल्ससयत पूल ब त आसा. भारत ८ मार्च क उरुग्वे आड, त्या उपरांत ९ मार्चक स्कॉटलंड आणि ११ मार्चक वेल्स आड खेळतलो.

**वेदर 20**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३३.२ डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २०.८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.